# उणाक दर्ज्याची आले, लसूण पेस्ट उत्पादक आनी विक्रेत्यांक दंड

ता. 19 मार्च 2025

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यानी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याखाला उणाक दर्ज्याची आले आनी लसूण पेस्ट उत्पादक आनी विक्रेत्या आड केल्ल्या कारवायेच्या प्रकरणात उत्तर गोंय अतिरिक्त जिल्होन्यादंडाधिकारी तथा न्याय अधिकाऱ्यान निवाडो दितना अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याचे उल्लंघन केल्ले खातीर उत्पादक आनी विक्रेत्यांक दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्या प्रमाण मान्यताय मर्यादे परस कमी प्रमाणात ऐसेटीक ऐसीड वापरून तयार केल्ली उणाक दर्ज्याची आले, लसूण पेस्ट उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर मे. शैलेंद्र रिषी राज इंडस्ट्री इंडिया प्रा. ली. मंगळूर कर्नाटक, मे. गंगा एंटरप्रायजेस, चर्चवाडो खोर्ली तिसवाडी आनी मे. बालाजी सुपर मार्केट, बेती रेईस मांगूस, बार्देस हांका प्रत्येकी 50,000/- रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/251

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.